**<u>नवी दिल्लीत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयच्या दालनाचे उक्तावण</u>**

ता. 14 नोव्हेंबर 2024

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपात आयोजीत 43 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात "Viksit Bharat @2047" ह्या संकल्पने वयल्या गोंयच्या दालनाचे म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांचे हस्तुकीं आयज उक्तावण जाले.

सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. शांतो नाईक, म्हायती सहाय्यक सिध्देश सामंत, गोंय गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळाचे प्रशासकीय अधिकारी सदाशिव पंडीत आनी हेर विभागांचे अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार श्री. बांदेकर हांच्या हस्तुकीं "आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय" पुस्तीकेचेय प्रकाशन जाले.

भारतीय वेपार प्रोत्साहन संघटने वतीन आयोजीत करपात येवपी हो एक व्हड भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळावो आसा आनी वेवसाय, उद्देग, संस्कृती आनी शिक्षणीक उपक्रमांच्या प्रोत्साहनाक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिता. मेळाव्यात उद्देग, वेपार आनी हेर वेवसायिक उत्पादनां आनी सेवांचे प्रदर्शन मांडपात येता.

भारत मंडपात गोंयचे दालन सुमार 203 चौ. मी. जागेत उबारपात आयिल्लें आसून दालन गोंयची वास्तुकला आनी प्रगतीचे दर्शन घडयता. गोंयच्या दालनात गोंयचे पर्यटन, गुंतवणूक सुविधा, उद्देग आनी हेर विकास, गोंयची लोककला आनी संस्कृती, गोंयची खाणां-जेवणां, सरबराय, आनी हेर सुविधांचेर प्रदर्शन मांडपात आयला.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यासयत, पर्यटन खाते, हस्तकला, कावी कला, टॅक्सटायल आनी कॉयर, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ, उद्देगीक विकास म्हामंडळ आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळ ह्या मेळाव्यात सहभागी जाला. तशेंच गोंयच्या हस्तकारांगिरांनी आपल्या उत्पादनाचे विक्री-प्रदर्शन मांडला. 27 नोव्हेंबर मेरेन हो वेपार मेळावो भरतलो.

गोंयच्या दालनाचे डिजायन आनी उभारणी मे. मिर्ची रिपब्लिक मिडिया प्रॉडक्शनचे सन्मान केंकरे आनी आर्यन खेडेकर हांणी केल्या. गोंयच्या दालनात प्रत्येक दिसा गोंयच्या कलाकारांवतीन गोंयच्या पारंपरीक कला आनी संस्कृतीचेर कार्यक्रमांचे सादरीकरण करपात येतले.

गोंयच्या दालनाच्या उक्तावणा पयली केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री श्री. पियुष गोयल हांचे हस्तुकीं आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचे उक्तावण जाले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/642

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.